# प्रादेशिक खबरो २७०८२०२५ @ ७.25 am

## गणेश 70

भाद्रपद शुद्द चतुर्थी दिसा दर वर्सा गणपतीचे पूजन जाता. पुराय गोंयकारांचे लाडके दैवत आशिल्ले गणपतीचे पूजन आज घरा घरांनी जातलें. गणपतीची मूर्ती हाडपा सयत माटोळी तशेच हेर तयारी सगळ्याक सुरू आशिल्ली. चवथीक लागून बाजारात गर्दी जाल्या. पावसाक लागून खरेदीक आडमेळी येतात. मात चवथीक लागून लोकांची खरेदीची उमेद मातूय उणी जावंक ना. गोंयांत देड, पाच, सात दिसांचे गणपती आसतात. घराघरांनी गणपती पूजपा सयत मुखेल शारांनी भोशीक गणपती पूजतात.आणि मडळा वरवि  जावपी कार्यावळी आनी देखावे हे एक मुखेल आकर्शण आसता.

## गणेश 80

गणपतीचे विसर्जन करताना संभाव्य धोक्याची शक्यता गृहीत धरून अंदू दृश्टीचे जवान विसर्जन थळांचेर दवरपाचो निर्णय जाला. दृश्टी एजन्सीच्या म्हणयाऱ्यान ही म्हायती दिली.

राज्यात आयज सावन चवथीची परब सुरू जाता. देड दिसांचे गणपती बिरेस्तारा पावयतलें. पाच दिसांचे गणपती आयतारा पावयतले. हाचे उपरांत सात, णव आनी इकरा दिसांच्या गणपतींचे विसर्जन जातलें. दर्यादेगांवेली 35 सुवाती  आनी हेर 12 मेळून 47 सुवातीचेर दृश्टीचे जीवरक्षक आसतलें.

सध्या पावसान नेट धरला. मिरामार, कळगुट, बागा ह्या दर्यादेगांनी उदकात वचून बरेच जाण विसर्जन करतात. जीवरक्षक गणपती उदकात वरपाक मजत करतलें. तशेच धोक्याची कल्पना भाविकांक दितलें

DIP 90

गोव्याचे राज्यपाल पी. अशोक गजपती राजू यांनी चवथीच्या शुभेचा दितना आपल्या संदेशात राज्यपालानी म्हणला , “हा पवित्र सण प्रत्येक घरात आनंद, सुसंवाद आणि समृद्धी घेऊन येवू. श्रीगणेश, विघ्नहर्ता, मंगलमूर्ती हे ज्ञानाचे आणि आडमेळ्यांचे निवारण करपी दैवत . चवथीच्या वेळार आमी गणरायाचे स्वागत करताना सामूहिक प्रगती, कल्याण आणि आव्हानांर मात करपाक शक्ती मेलची हे खातीर त्यांचे आशीर्वाद घेऊया”.
हा उत्सव माटोळीच्या प्रदर्शनांपासून ते पारंपारिक मिठाई व प्रार्थनेपर्यंत, तो पिढ्यान पिढ्या सगळयाक भक्ती आणि आनंदान एकठाय हाडटा. अंदु चवथीचा परब पर्यावरणपूरक परंपरा सामभाळपाक आपल्या समुदायामदी सुसंवाद साध्पाक आणि ही मूल्ये भावी पिढ्यांपर्यंत पाव्पाक प्रेरणा दित्लो , अशी आशा राज्यपालांनी व्यक्त केली.

DIP 125

गोंयकारांच्या सगळयात प्रिय सणांपैकी एक अशील्या गणेश चतुर्थीच्या मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत यांनी लोकांक शुभेच्छा दिल्यात. मुख्यमंत्र्यांनी लोकांना पर्यावरणपूरक आणि समृद्ध गणेशोत्सव मनोवपाचे आवाहन केला. मुख्यमंत्री डॉ. सावंत यांनी आपल्या संदेशात म्हनला की, "गणेश चतुर्थी हा सगळयात महत्वाचा सण व्हडा उत्साह आणि आनंदान मनयतात. गणपती बाप्पा मार्गदर्शक, संरक्षक आणि आडमेली पयस करपी दैवत म्हणून वळखतात . श्री गणेश हे ज्ञान, विद्या, धार्मिकता, सौभाग्याचे मूर्त स्वरूप आसा आणि त्यांच्या भक्तांच्या हृदयात त्यांचे विशेष स्थान आसा गणरायाक विघ्नहर्ता, मंगलमूर्ती आणि सगळयात पयली पूजतात
“श्री गणेशाच्या आशीर्वादान, गोय आडमेल्याचेर मात करून सगळ्य क्षेत्रात समृद्ध जाव या शुभ प्रसंग, आमी एकठाय विकसित गोवा निर्माण करण्याची प्रतिज्ञा करूया. ‘विकसित गोवा २०३७’ आणि ‘विकसित भारत २०४७’साठी आमी

योगदान देतना, राज्यातले  विकासात्मक कार्यक्रम असेच सुरू उरू, हे गणरायाकडे आपले मागणे मुख्यमंत्री म्हणले.

Sushant – 60

केंद्र सरकारची जल जीवन अभियान येवजण दक्षिण गोंयांत प्रभावीपणा चालीक लावपाखातीर दक्षिण गोंय जिल्होधिकारी एग्ना क्लीट्स हांणी फुडाकार घेतला. तांच्या अध्यक्षतेखाला हेविशीचो नियाळ घेवपाखातीर पयली म्हयन्याळी बसका जाली. हे बसकेंत जिल्ह्यातल्या दरेका गांवांत 'गांव उदक आनी नितळसाण समिती' स्थापन करपाचो निर्णय घेतला.
हे बसकेत जिल्होधिकारी एग्ना क्लीट्स हांचेसयत अतिरिक्त जिल्लोधिकारी रमेश गांवकार, जिल्लो उदका आनी नितळसाण समितीचे वांगडी सचीव नारायण एस आनी हेर खात्याच्या अधिकारी अशील्ले .

स्पोर्ट्स 30

मडगावा जावपी ३८ व्या राष्ट्रीय १३ वर्सा सकयल्या बुद्धिबळ सर्तिक बेस बरो प्रतिसाद मेळलो. उक्त्या आणि चलयाच्या गटात मेलून 500 शेच्या आसपास बुद्धिबळ पटू खेळतले अशी माहिती आयोजकांनी दिल्या. सरत 3 ते 9 सेप्टबराक काल्कोंडा हांगा जातली

बुद्धिबळ 50

बुद्धिबळात, भारतीय ग्रँडमास्टर आर प्रज्ञानंदान अमेरिकेतल्या ग्रँड चेस टूरचा भाग आशिल्या सिंकफिल्ड कपच्या सातव्या फेर येत फ्रेंच अलिरेझा फिरोजाचेर जैत जोडले. या विजया सयत त्याने स्पर्धेत संयुक्त आघाडी घेतल्या. हा प्रज्ञानंदाचो सलग दोन अनिर्णित जैता उपरांतचे दुसरे जैत आता तो लीडरबोर्डच्या शीर्षस्थानार आशिल्या अमेरिकन ग्रँडमास्टर फॅबियानो कारुआनाच्या बरोबरीन पावला. त्याच दिसा, जागतिक विजेता डी गुकेशाक अमेरिकन वेस्ली सोन हारायलो

IMD 40

पणजी वेधशाळेन प्रमाण राज्य राज्यात फुडले सात दिस व्हडा प्रमाणात पावस पडू येता वारे वराक 30 ते 40 किलो मिटर वेगान व्हावतले ताचो वेग 50 किलोमीटर इतलो वाडू येता देखून नुसते मारानी हे काळात खोल दऱ्यांत वचचे न्ही अशे वेधशाळेन कळीत केला